२१-०५-२०२५

सकाळी - ८.४०

वाचपी : कौस्तुभ आपटे

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

ऑपरेशन सिंदूरचेर भारताच्या राजनितिक संवसारीक संपर्काखातीर स्थापन केल्ल्या सात सगळ्या पक्षांच्या शिष्टमंडळांपेकी पयले शिष्टमंडळ आयज चार देशांत वचपाक भायर सरतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे चांसलर फ्रेडरिक मर्झ हांणी खंयच्याय प्रकारच्या आतंकवादाक फुडो करपाखातीर एकठांय रावपाची कटीबद्धताय उक्तायली.

दिल्ली मंत्रिमंडळान ३ किलोवॅटच्या रूफटॉप सौर पॅनल बसोवपाक ३०,००० रुपयांच्या अनुदानाक मान्यताय दिल्या.

मध्य प्रदेश मंत्रीमंडळान महानगरीय प्रदेश नियोजन आनी उदरगत कायद्याक मान्यताय दिल्या.

जर्मनीतल्या सुहलात चलतल्या आयएसएसएफ ज्युनियर संवसारीक कप नेमबाजी सर्तीत एड्रियन कर्माकर हांणे रुप्या पदक मेळयले.

दिल्ली मंत्रिमंडळ - १३०

दिल्ली मंत्रिमंडळान ३ किलोवॅटच्या रूफटॉप सौर पॅनल बसोवपाक ३०,००० रुपयांच्या अनुदानाक मान्यताय दिल्या. मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांच्या अध्यक्षतायेखाला काल जाल्ल्या मंत्रिमंडळ बसकेत हो निर्णय घेतलो.  हो निर्णय केंद्र सरकारच्या प्रधानमंत्री सूर्य घर येवजणेअंतर्गत ७८ हजार रुपयांच्या अनुदानाक पूरक आसा अशें दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी म्हळे. सरकारान वायू प्रदूषण आडावपाखातीर धूल्ल नियंत्रण येवजण लेगीत सुरू केल्या. ह्या येवजणेअंतर्गत, गीमाच्या हंगामाआदी २५० उदकाचे स्प्रिंकलर, ७० एम.आर.एस. मशीनसयत एकठाय केल्ले २१० उदकाचे स्प्रिंकलर, अँटी-स्मॉग गन, १८ डंप व्हेईकल्स आनी १८ उदकाचे टँकर तैनात करपाक मान्यता दिल्या अशेंय तांणी सांगले. शिक्षण संचालनालयाच्या गुणवंत विद्यार्थ्यांखातीर मुख्यमंत्री शिष्यवृत्ती येवजणेचे नाव बदलून लाल बहादूर शास्त्री शिष्यवृत्ती योजना अशें दवरपाच्या प्रस्तावाक लेगित मंत्रिमंडळान मान्यताय दिली.

दिल्ली सरकार नागरिकांक नितळ ऊर्जा, नितळ हवा आनी दर्जेदार शिक्षण दिवपाक वचनबद्ध आसा अशेंय दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी हेवेळार सांगले.

अमित शहा - ११०

'श्वेत क्रांतीच्या दुसऱ्या पावंड्याअंतर्गत सहकारी दुग्ध क्षेत्रात शाश्वत उदरगत सुनिश्चित करपाक जाय अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शहा हांणी म्हळां. ते काल नवी दिल्लीत सहकारी दुग्ध क्षेत्राविशीच्या बसकेत उलयताले. जर शेतकारांचे उत्पन्न वाडोवपाचे आसत, तर एकात्मिक सहकारी संस्थांचे जाळे निर्माण करपाची गरज आसा, जंय खुपशी कामा सहकारी संस्थांमदल्या परस्पर सहकार्यान आनी सहकार्यातल्यान जाता अशेंय तांणी सांगले. सहकार्यातल्यान समृद्धीचा मंत्र फुडे व्हरताना, सहकारी दुग्ध क्षेत्राखातीर तीन नव्यो भोव-राज्य सहकारी संस्था स्थापन करपाचो निर्णय घेतला अशेंय तांणी म्हळे. पयली समिती 'जनावरांचें चारा उत्पादन, रोग नियंत्रण आनी कृत्रीम गर्भाधान', दुसरी 'शेण वेवस्थापन मॉडेल विकसीत करप' आनी तिसरी 'मेल्ल्या गोरवांच्या अवशेशांचो चक्रीय वापर' हाचेर भर दितली. केंद्रीय सहकार राज्यमंत्री कृशन पाल गुर्जर आनी मुरलीधर मोहोल हेय बसकेक हाजीर आशिल्ले.

जे. पी. नड्डा - ७०

केंद्रीय रसायन आनी सारे मंत्री जे. पी. नड्डा हांणी भारतीय रसायन परिषदेच्या शिष्टमंडळावांगडा देशाच्या अर्थव्यवस्थेतल्या रसायन क्षेत्राच्या महत्वाच्या भूमिकेचेर चर्चा करपाखातीर काल बसका घेतली. २०४० मेरेन रासायनिक उद्देग २२० अब्ज डॉलर्सवेल्यान १ ट्रिलियन डॉलर्समेरेन वाडोवपाचे मोख आसा अशें सोशल मिडीय पोस्टात तांणी म्हळे. क्षेत्रामुखार आशिल्ल्या आव्हानांचेर ह्या बसकेत चर्चा केली अशेंय तांणी सांगले. सरकार तांच्यो समस्या सुटाव्यो करपाखातीर कटीबद्ध आसा आनी रासायनिक उद्देगाक फावो ती मजत करपाकूय तयार आसा अशें केंद्रीय मंत्र्यांनी शिष्टमंडळाच्या वांगड्यांक आस्वासन दिले.

राष्ट्रपती - ३०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी कर्नाटक उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश केम्पैया सोमशेखर हांची मणिपूर उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश म्हूण नियुक्ती केल्या. कायदो आनी न्याय मंत्रालयान एका प्रसिद्धीपत्रकात ही माहिती दिल्या.

जयशंकर - १३०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी काल हेग हांगा नेदरलँडचे प्रधानमंत्री डिक स्कूफ हांची भेट घेतली. ह्या भेटीवेळार, दोनूंय

फुडा-यांनी भारत-नेदरलँड्स संबंधांविशी समाधान उक्तायले. नियमित उच्चपावंड्यावेल्यो भेटी आनी दिवप-घेवप हेवरवी द्विपक्षीय संबंध घटमूट करपाचेर तांणी सहमती उक्तायली. आतंकवादा आडच्या झूंजात नेदरलँड्सच्या एकचाराची डॉ. जयशंकर हांणी तोखणाय केली. डॉ. जयशंकर हांणी तांचे समपदेस्त विदेश वेव्हार मंत्री कॅस्पर वेल्डकॅम्प हांचेकडेन लेगित बसका घेतली आनी द्विपक्षीय सहकार्याचो नियाळ घेतलो. व्यापार, अर्थव्यवस्था, विज्ञान, तंत्रगिज्ञान, उदक, शेती, भलायकी, शिक्षण, संस्कृती आनी लोकांमदलो संबंध ह्यासारख्या विंगड विंगड मळावेल्या प्रगतीविशी दोघांनीय समाधान उक्तायले. तांणी डिजिटल तंत्रगिज्ञान, सेमीकंडक्टर, एआय आनी ग्रीन हायड्रोजन ह्या नव्या आनी उदेन्मुख मळावेले सहकार्य वाडोवपाचेर लेगित चर्चा केली.

डॉ. जयशंकर हांणी संरक्षण मंत्री रुबेन ब्रेकेलमन्स हांचीय भेट घेतली आनी दोनूंय देशांमदले संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्य वाडोवपाविशी चर्चा केली. संरक्षण मळार सहकार्य आनीक घटमूट करपाचेरुंय दोनूंय वटेन सहमती उक्तायली.

शिष्टमंडळ - १७०

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याउपरांत आतंकवादाआडच्या ऑपरेशन सिंदूरचेर भारताच्या राजनितिक संवसारीक संपर्काखातीर स्थापन केल्ल्या सात सगळ्या पक्षांच्या शिष्टमंडळांपेकी पयले शिष्टमंडळ आयज चार देशांत वचपाक भायर सरतले. शिवसेना खासदार श्रीकांत शिंदे हांच्या फुडारपणाखाला हे शिष्टमंडळ संयुक्त अरब अमिराती, लायबेरिया, काँगो आनी सिएरा लिओनाक भेट दितले. जनता दल युनायटेडचे खासदार संजय झा आनी द्रमुक पक्षाच्यो खासदार कनिमोझी हांच्या फुडारपणाखाला दोन शिष्टमंडळ फाल्या इंडोनेशिया, मलेशिया, कोरिया, जपान आनी सिंगापूर आनी स्पेन, ग्रीस, स्लोव्हेनिया, लाटविया आनी रशियाक वचपाक भायर सरतले.

हे भोवपक्षीय शिष्टमंडळ आतंकवादाआड शून्य सहनशीलतेच्या धोरणाप्रमाण आतंकवादाआड झूंजपाखातीर भारताची राष्ट्रीय वचनबद्धताय आनी निर्धार दाखयतले. विदेश वेव्हार सचिव विक्रम मिस्री हांणी काल नवी दिल्लीतल्या संसद भवनात ह्या तिनूंय शिष्टमंडळांच्या वांगड्यांक भारताच्या राजनितिक दृष्टिकोनाविशी माहिती दिली.

शिष्टमंडळातल्या वांगड्यांक भारतात जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यांविशी आनी पाकिस्तान शीमेपलतडच्या आतंकवादाक कशी ऊर्बा दिता हाची माहिती दिली अशें बसके उपरांत खबराकारांकडेन उलयताना श्रीकांत शिंदे हांणी सांगले.

पाच देशांच्या भेटीवेळार पाकिस्तानकडच्यान भारतात फाटल्या कांय दसकांसावन जायत आशिल्ल्या आतंकवादी कारवायेचो उल्लेख करतले आनी हेर देशांमदल्या आतंकवादी घडणूकांचो पाकिस्तानकडेन संबंध आसा हे सिद्ध जाला हे सांगतले अशें दुसऱ्या शिष्टमंडळाचे फुडारपण करपी संजय झा हांणी सांगले.

प्रधानमंत्री - ८०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल जर्मन चांसलर फ्रेडरिक मर्झ हांचेकडेन प्रादेशिक आनी संवसारीक घडामोडींविशी चर्चा केली. दोनूंय देशांनी आतंकवादाक फुडो करपाखातीर एकठांय रावपाची वचनबद्धताय उक्तायली. फोनावरवी केल्ल्या चर्चेवेळार, दोनूंय फुडा-यांनी सगळ्या प्रकारच्या आतंकवादाक फूडो करपाखातीर संकल्प केलो, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगले. फ्रेडरिक मर्झ हांका जर्मनीचे चान्सलर जाल्ल्याविशी तांका परबी भेटयली आनी दोनूंय देशांमदली धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमूट करपाविशीची गजाल परतून उलयले, अशें सोशल मीडिया पोस्टात, प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे. दोनूंय फुडा-यांमदल्या चर्चेंत प्रधानमंत्री मोदीं हांणी चान्सलर मर्झ हांका भारत भेटीचेय आपोवणे दिले.

मध्य प्रदेश मंत्रीमंडळ - १३०

म्हत्वाच्या घडणुकेंत मध्य प्रदेश मंत्रीमंडळान महानगरीय प्रदेश नियोजन आनी उदरगत कायद्याक मान्यताय दिल्या. ताका लागून दोन मुखेल शारां – भोपाळ आनी इंदौर हीं महानगरां जावपाची वाट मेकळी जाल्या. प्रस्तावीत भोपाळ महानगर क्षेत्र भोपाळ, रायसेन, विदिशा, सीहोर आनी राजगढ ह्या पांच जिल्ह्यांनी पातळटलो. इंदौर, उज्जैन, देवास आनी धार जिल्ह्यांचो इंदौर महानगरांत आस्पाव जातलो. प्रस्ताव संमत जाले उपरांत आतां सरकार महानगर नियोजन समिती आनी महानगर विकास प्राधिकरण स्थापन करतले. दरेका महानगराच्या भौगोलिक आनी अर्थीक गरजे खातीर हे अधिकारी एकात्मिक उदरगत येवजण तयार करतले आनी चालीक लायतले अशें मुख्यमंत्री मोहन यादव हांणी सांगलें. १० लाखां परस चड लोकसंख्या आशिल्ल्या राज्यांतल्या शारी वाठारांची एकत्रीत प्रादेशिक उदरगत सुनिश्चीत करप हो हे फाटलो मुखेल हेत आसा. महानगर प्रदेश उदरगत प्राधिकरण नियुक्त

महानगरा खातीर उदरगत येवजणेचो मसुदो तयार करतलो. मसुद्याक मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत उदरगत येवजण चालीक लायतले.

**IMD WEATHER - 100**

भारतीय हवामान खात्यान आयज कर्नाटकांतल्या दर्यादेगेवेल्या आनी घाट वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज आसाम, मेघालय, कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रात मुसळधार ते सामको मुसळधार पडपाची शक्यताय आसा. आंध्र प्रदेश, बिहार आनी झारखंडांतय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखे मेरेन उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशात गडगड, वारें आनी वीज पडपा वांगडा पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

नेमबाजी - ६०

जर्मनीतल्या सुहलात चलतल्या आयएसएसएफ ज्युनियर संवसारीक कप नेमबाजी सर्तीत एड्रियन कर्माकर हांणे काल ५० मीटर रायफल प्रोन सर्तीत रुप्या पदक मेळोवन भारताचे पदक खाते उक्ते केले. २० वर्सा पिरायेच्या ह्या खेळगड्यान ६२६.७ गुण मेळयले. स्वीडनचो भांगरापदक जैतीवंत जेस्पर जोहान्सन परस फकत ०.३ गुणांनी तो फाटी रावलो. ह्या सर्तीत ज्युनियर गटात एड्रियनच्या कामगिरीक लागून एक नवो राष्ट्रीय विक्रम प्रस्थापित जालो.

आयपीएल - ११०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात राजस्थान रॉयल्स पंगडान चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडाक ६ गड्यांनी हारयले. राजस्थान रॉयल्स पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान निर्धारीत २० शटकात ८ बाद १८७ धावंड्यो केल्यो. आयुष म्हात्रेन सगळ्यान चड ४३ धावंड्यो केल्यो. राजस्थान रॉयल्सच्या युधवीर सिंग चरक आनी आकाश मधवाल हांणी दरेकी तीन गडे बाद केले. आकाश माधवालला सामनावीर म्हणून घोषित करण्यात आले. उपरांत राजस्थान रॉयल्स पंगडान १७.१ षटकांत चेन्नय पंगडान दिल्ले १८८ धावंड्यांचे मोख हुंपले. वैभव सूर्यवंशीन 57, जाल्यार संजू सॅमसनान ४१ धावंड्यांचे योगदान दिले. आयज मुंबई इंडियन्स पंगड दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाआड खेळतलो. हो खेळ मुंबईच्या वानखेडे स्टेडियमात सांजे ७.३०क जातलो.